# <u>नवी दिल्लीत प्रजासत्ताक दीस संचलनात गोंयचो चित्ररथ</u>

ता. 23 जानेवारी 2025

नवी दिल्लीत 26 जानेवारी 2025 दिसा कर्तव्यपथार प्रजासत्ताक दीस संचलनाच्या सांस्कृतीक मिरवणूकीत गोंयचो चित्ररथ प्रदर्शीत करतले. नवी दिल्लीत प्रजासत्ताक दीस संचलनात गोंय सरकाराच्या म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीन गोंयच्या चित्ररथाचे प्रदर्शन जातले.

स्वर्णिम भारत, विरासत और विकास म्हळ्यार सुवर्ण भारत, वारसो आनी विकास, ह्या संकल्पने वयल्या गोंयच्या चित्ररथा वरवीं राज्याचो सांस्कृतीक वारसो आनी प्रगतीचे दर्शन घडोवपात येतले.

गोंयचो चित्ररथ तयार करपाचे काम नवी दिल्लीच्या राष्ट्रीय रंगशाळा शिबीरात लागी लागी पुर्ण जाल्ले आसून कुशळ कारांगिरांचो पंगड चित्ररथ तयार करपाचे काम करतात. ह्या पंगडात चित्रकार, सुतार, पेंटर, फॅब्रिकेटर आनी हेरांचो आसपाव आसा. राजपथार 23 जानेवारीक चित्ररथांची रंगीत तालीम जाली. गोंयच्या चित्ररथावांगडा राज्याच्या वेगवेगळ्या वाठरांतले लोककलाकांर सहभागी जातले.

राज्य सरकारान गोंयचो चित्ररथ प्रदर्शीत करपाखातीर वारखंडे फोंडेचे श्री. सुशांत खेडेकर हांच्या चित्ररथ आराखड्याची निवड करून नवी दिल्लीक संरक्षण मंत्रालयाक धाडिल्लो आनी मंत्रालयाच्या तज्ञ समितीन ह्या आराखड्याची निवड केल्ली आसा.

ह्या वर्सा ह्या चित्ररथा खातीर संगीत डॉ. साईश देशपांडे हांणी दिलां. दिनेश प्रियोळकार हांच्या फुडारपणा खाला लायव्ह डान्स सादर करतले. नृत्यदिग्दर्शन निषाद हांणी केलां. वेशभुशा संगीता आनी अवनी खेडेकार हांणी केल्या.

कर्तव्यपथा वयल्या संचलना उपरांत 26 ते 31 जानेवारी ह्या काळांत भारत पर्व सुवाळ्याचो एक भाग म्हूण हेर सहभागी राज्यांसयत गोंयचो चित्ररथ लाल किल्ल्याचेर प्रदर्शीत करतले. ह्या काळांत संबंदीत राज्यांतल्या कलाकारांची सांस्कृतीक कार्यावळ जातली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/83

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.